# मुख्यमंत्र्यांन जल जीवन मोहिमेखाला आय ई सी कार्यक्रमाची सुरूवात केली

ता. 09 एप्रिल 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज रविंद्र भवन, सांखळी हांगा जल जीवन मोहिमेखाला आयोजीत माहिती, शिक्षण आनी प्रसारण आनी क्षमता निर्माण कार्यक्रमाचो भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दीपक प्रभू पावसकर हांच्या उपस्थितीत शुभारंभ केलो.

ह्या वेळार उलयताना डॉ. सावंत हांणी प्रत्येकान आपल्या जीणेत उदकाचे म्हत्त्व जाणून घेवन निवळ उदकाचो इबाड थांबोवपाची गरज उक्तावन वापरिल्ल्या उदकाचेर प्रक्रिया करून ते परत वापरांत हाडपाचो उलो मारलो.

गोंय हे "हर घर नल से जल" येवजण राबोवपी पयले राज्य आशिल्ल्याचें सांगून मुख्यमंत्र्यांन हे उद्दीश्ट पुर्ण केल्ले खातीर पीडब्ल्यूडीच्या अधिकाऱ्यांच्या कामाची तोखणाय केली. खंयचीय सरकारी येवजण यशस्वी करपाखातीर लोकांचो सहभाग चड म्हत्वाचो आशिल्ल्याचे सांगून स्वयंपुर्ण गोंय सारखी येवजण सरपंच, पंच आनी हेर विंगड विंगड संस्थांच्या सहभागाबगर साध्य करप कठीण आशिल्ल्याचे तांणी म्हणले. थळाव्यां पंचायतींनी आपल्या वाठारांतल्या आपवावूरपी संस्थांच्या सहभागान स्वयंपुर्ण गोंय मोहिम यशस्वी करपाची जबाबदारी घेवची, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दीपक प्रभू पावसकर हांणी जल जीवन मिशन येवजणेचेर उजवाड घालतना ह्या प्रकल्पाची अंमलबाजावणी करपाबाबतीत गोंय राज्य देशांत खुप फुडें आशिल्ल्याचे सांगले. ग्रामीण वाठारातल्या प्रत्येक घरात निवळ उदका पुरवण करप हो ह्या केंद्र सरकारच्या येवजणेचो उद्देश आसा, अशेंय तांणी सांगले.

सरकार सध्या राज्यांतल्या बाराय तालुक्यांतल्या सगळ्या पंचायतींनी निवळ पिवपाच्या उदकाची पुरवण करता म्हणपाचे सांगून श्री.पावसकर हांणी लोकांक पीडब्ल्यूडीन राबयिल्ल्या आनी सध्या चालू आशिल्ल्या ओटीएस येवजणेचो लाव घेवपाचो उलो मारलो.

भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुख्य अभियंते, श्री. उत्तम पार्सेकार, मुख्य अभियंते - I, श्री, संतोष म्हापणे, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री गोपाळ सुर्लाकार, श्री, महेश सावंत, श्री, प्रदीप रेवोडकार, गट विकास अधिकारी श्री श्रीकांत पेडणेकार ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

सुरवातीक श्री उत्तम पार्सेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिवन जल जीवन मिशन संकल्पनेची माहिती करून दिली.

गोंयच्या आपवावूरपी संघटनेचे अध्यक्ष श्री राज वैद्य हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

अडवलपाल पंचायतीचे सरपंच श्री अर्जुन गावकर, आमोणा ग्रामपंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती सालिया गावस, कुडणेचे सरपंच श्री महेंद्र एकावडे, लाटंबार्शेच्यो सरपंच श्रीमती संजना नाईक, मेणकुरे धुमासेचे सरपंच श्री तुळशीदास चोडणकर, मये वायंगिणीच्यो सरपंच श्रीमती शितल सावंत, वनमावळींगेचे सरपंच श्री निलेश जल्मी, हरवळेचे श्री. गुरुप्रसाद नाईक आनी नावेलीच्यो सरपंच श्रीमती नम्रता गावस हांका ह्या वेळार आपल्या वाठारांतल्या उदकाची तपासणी करपाखातीर खास किट भेटयले.

श्री गोविंद भगत हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले जाल्यार श्री संतोष म्हापणे हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ *2021/395*

--

Issued by Department of Information & Publicity